25 May 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं, देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.
- प्रधानमंत्री आयज नवी दिल्लीत, NDA शासित राज्यांचे मुख्यमंत्री आणि उपमुख्यमंत्र्यांचे बसकेचे अध्यक्षपद सामाळतले.
- केंद्र सरकारान 2024-25 आर्थिक वर्साखातीर, कर्मचाऱ्यांच्या भविष्य निधी ठेवींचेर, 8.25 टक्के व्याजदराक मान्यताय दिल्या.
- सरकार दर वर्सा, Khelo India Northeast Games सर्तीचें आयोजन करतले.
- भारताच्या शांभवी श्रवण क्षीर-सागर हिणें नेमबाजीत, जर्मनींतल्या सुहल शारांत जाल्ल्या ISSF ज्युनियर वर्ल्ड कप सर्तीत, भांगरा पदक जिखलें.

-----------------------------------------------

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 122वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

-----------------------------------------------

**NDA-GOVERNANCE**

राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी (एनडीए) शासित राज्यांचे मुख्यमंत्री आणि उपमुख्यमंत्री आज राष्ट्रीय राजधानीत सुशासनाच्या मुद्द्यांचेर एक दीसभर चलपी विचारमंथन सत्रांत वांटो घेतले. आमचो प्रतिनिधी कळीत करता त्या प्रमाण, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले आनी भाजपाचे अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा, गृहमंत्री अमित शाह, आनी संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हेय विचारविनिमयांत वांटो घेतले.

---------------------------------------------

**REV. GOVT - EPF RATE**

केंद्रान 2024-25 वित्तीय वर्सा कर्मचाऱ्यांच्या भविष्य निधी (ईपीएफ) ठेवींचेर 8.25 टक्के व्याजदराक मान्यताय दिल्या. हाचो फायदो भारतभरांतल्या 7 कोटी वयर पगारदार कर्मचाऱ्यांक जातलो.कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेच्या (ईपीएफओ) केंद्रीय विश्वस्त मंडळान हो दर ह्या वर्साचे सुरवेक शिफारस केल्लो. फाटल्या वर्साय ईपीएफचेर व्याजदर 8.25 टक्के आसलो, जाल्यार 2022-23 वित्तीय वर्सा 8.15 टक्के आशिल्लो.कर्मचारी भविष्य निधी संघटनेनय म्हत्वाचे कार्यकारी मार्गदर्शक तत्वां साध्य केल्यात. 2024-25 वित्तीय वर्सा 6 मार्च मेरेन विक्रमी 2 कोटी 16 लाख दावे डिजिटल पद्धतीन आपोआप निकालात काडले. फाटल्या वित्तीय वर्सा हो आंकडो 89.52 लाख आशिल्ले.

---------------------------------------------

खेळो मंडाविया

सरकार दर वर्सा, आठ राज्यांतल्या एका राज्यांत, Khelo India Northeast Games सर्तीचें आयोजन करतले, अशें युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय हाणी जाहीर केलां. नवी दिल्लींत जाल्ल्या, रायजिंग ईशान्य गुंतवणूकदार शिखर सभेंत संबोधीत करतना तांणी सांगलें, कि सरकार जायत्या उपक्रमां वरवीं ह्या वाठारांतली खेळां पर्यावरण यंत्रणा, घटमूट करपाक पुरायपणान वचनबद्ध आसा. 2030 वर्सा राष्ट्रकुल खेळ आनी 2036 वर्सा Summer Olympicsचें आयोजन

करपाचें ध्येय दवरून, आंतरराष्ट्रीय सर्ती घडोवन हाडपाक हि बरी सुवात आसा, अशेंय खेळां मंत्री मांडवीय हांणी सांगलें.

----------------------------------------------

ब्राझील ब्रिक्स

ब्राझीलांत फाल्यांच्यान सुरू जावपी, ब्रिक्स संस्कृती मंत्र्यांचे बसकेंत भारत वांटो घेतलो. ह्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या कार्यावळींत, संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले आनी देशाचें प्रतिनिधित्व करतले. हे बसकेंत ब्रिक्स राश्ट्रांतले संस्कृती मंत्री - ब्राझील, रशिया, भारत, चीन, आनी दक्षिण आफ्रिकेचे संस्कृती मंत्री एकठांय येवन, परस्पर समजूत आनी संस्कृतीक सहकार्याक चालना दितात. संयुक्त सांस्कृतीक प्रकल्प, संस्थांनी भागीदारी, आनी ब्रिक्स देशांचें विविध दायज सांबाळपाचे यत्न, हांचे वरवीं संबंद घटमूट करपाचेर, अंदूं वर्सा लक्ष केंद्रीत केलां.

----------------------------------------------

पीएम नीती

सगळ्यो सुविधा आनी मुळावी बांदावळ आशिल्ले, दर राज्याक उण्यांत उणें एक पर्यटन थळ, संवसारीक मानका प्रमाण विकसीत करचे, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत निती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेत, प्रधानमंत्र्यानी 'वन स्टेट: वन ग्लोबल डेस्टिनेशन' हे कल्पनेचेर भर दिलो. ह्या उपक्रमाक लागून पर्यटनाक चालना मेळटलीच, पूण शेजारच्या शारांची पर्यटन थळां म्हूण उदरगत जातली, अशेंय तांणी नदरेक हाडलें.

----------------------------------------------

नीती सिंदूर

दिल्लींत काल जाल्ले नीती आयोगाचे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेंत, सगल्या राज्यांनी आनी केंद्र शासित प्रदेशांनी ऑपरेशन सिंदूराचेर सशस्त्र दळाक, एकमतान एकचार आनी तेंको उक्तायलो. नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती

दितना नीती आयोगाचे सीईओ, बीव्हीआर सुब्रहमण्यम हांणी सांगलें, कि संरक्षण दळांची आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाची, सगळ्यांनी तोखणाय केल्या. विकसित भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर, ऑपरेशन सिंदूर वेळार दाखयल्लें टीम इंडियाचें बळगें जाय पडटलें, हांचेर हे बसके वेळार प्रधानमंत्र्यानी भर दिलो, अशेंय सुब्रहमण्यम हांणी सांगलें.

---------------------------------------------

शशी थरूर

कॉँग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला, सर्वपक्षीय शिश्टमंडळान अमेरिकेंत, पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी तळांक, मुख्यालयांक आनी लाँचपॅडांक भारतान, कसो प्रतिसाद दिलो हाचेर भर दिला. न्यूयॉर्कांतल्या वाणिज्य दूतावासांत संवाद सादतना, थरूर हांणी पाकिस्ताना वांगडा झुजांत, भारताक रूची ना, अशें सांगले. २१साव्या शेंकड्यांतल्या संवसाराची तयारी करतना, देशाची अर्थवेवस्था वाडोवपाक आनी लोकांक उबारपाच्या दिकेन, भारत पावला मारता, हेविशीं तांणी सांगले.

---------------------------------------------

रशिया युक्रेन

रशियेन काल बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्रां आनी 250 ड्रोन वापरून, युक्रेनाचेर व्हड प्रमाणांत हल्लो केलो, असो दावो युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोदिमिर झेलेन्स्की हाणें केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, झेलेन्स्की हांणी रशिया झुजाची लांबाय वाडयता, असो आरोप केला आनी तांणी अमेरिका आनी युरोपाकडल्यान हांचेर खर प्रतिसाद दिवपाची, मागणी केल्या. दुसरे वटेन, रशियन लश्करान म्हळां, कि मंगळारा सावन, युक्रेनान 788 ड्रोन आनी क्षेपणास्त्रां वरवीं, तांका लक्ष्य केला.

---------------------------------------------

शूटिंग

नेमबाजीत काल रातीं, जर्मनींतल्या सुहल शारांत जाल्ल्या ISSF ज्युनियर वर्ल्ड कप 2025 सर्तींत, बायलांच्या 10 मीटर एअर रायफल सर्तींत, भारताची शांभवी श्रवण क्षीरसागर हिणें भांगरा पदक जिखलें. ह्याच सर्तींत आनीक एक भारतीय ओजस्वी ठाकुर हांणी, रुप्या पदक जोडलें.

---------------------------------------------

IPL

**आयपीएल. टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत जाल्ल्या खेळांत दिल्ली कॅपिटल्सान पंजाब किंग्साक स विकेटींनी हारयलो.** पयली फलंदाजी करतना पंजाब किंग्सान निर्धारित वीस ओव्हरींनी आठ गडे बाद 206 धांवड्यो केल्यो. कर्णधार श्रेयस अयरान अर्द शतक केलो. दिल्ली कॅपिटल्स खातीर मुस्तफिझूर रहमानान तीन विकेटी घेतल्यो. जाल्यार विपराज निगम आनी कुलदीप यादव हांणी दरेकीं दोन विकेटी घेतल्यो. 208 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी दिल्ली कॅपिटल्सान समीर रिजवीच्या अर्दशतकाच्या नेटार निमाण्या ओव्हरींत जैत मेळयलें. रिझवीक लेयर ऑफ-द-मैच म्हूण जाहीर केलो.
आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत दनपारां 3:30 वरांचेर गुजरात टायटन्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स पंगडा मदि खेळ जातलो. दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर सांजवेळा 07:30 वरांचेर सनरायजर्स हैदराबाद, कोलकाता नाइट रायडर्स आड खेळतले.

---------------------------------------------

हवामान

नैऋत्य मान्सून काल केरळात दाखल जालो. मान्सून केरळात, १ जून दिसा पावता. मात, अंदु वर्सा सप्तकभर बेगीनाच केरळात, मान्सूनचे आगमन जाले. केरळांत व्हड प्रमाणांत पावस चालूच आशिल्ल्यान, ह्या म्हयन्याचे 28 तारखे मेरेन, हवामान खात्यान अलर्ट जारी केला. २००९ उपरांत मान्सून बेगीन दाखल जावपाची, हि पयलीच खेप आसा. २००९ वर्सा २३ मे दिसा, मान्सून केरळात पाविल्लो. ताकालागून आता गोंयांत लेगीत बेगीन पावतलो, असो अंदमास आसा. मजगती, काल रातीं उसरां दिल्ली एनसीआरात, व्हड पावस आनी वारें

मारिल्ल्यान, उश्णतेंतल्यान विसव मेळ्ळो. मात, राश्ट्रीय राजधानीच्या जायत्या वाठारांनी, वाहनां येरादारींत आडमेळीं आयलीं. भारतीय हवामान खात्यान दिल्ली खातीर रेड अलर्ट जारी केल्या उपरांत, दिल्लीत गडगड, जगलाक सुरवात जाली. लोकांक घरांत रावचे आनी झाडां सकयल आलाशिरो घेवचो न्हय, असो सल्लो आयएमडीन दिला.

---------------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं, देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.
- प्रधानमंत्री आयज नवी दिल्लीत, NDA शासित राज्यांचे मुख्यमंत्री आणि उपमुख्यमंत्र्यांचे बसकेचे अध्यक्षपद सामाळतले.
- केंद्र सरकारान 2024-25 आर्थिक वर्साखातीर, कर्मचाऱ्यांच्या भविष्य निधी ठेवींचेर, 8.25 टक्के व्याजदराक मान्यताय दिल्या.
- सरकार दर वर्सा, Khelo India Northeast Games सर्तीचें आयोजन करतले.
- भारताच्या शांभवी श्रवण क्षीर-सागर हिणें नेमबाजीत, जर्मनींतल्या सुहल शारांत जाल्ल्या ISSF ज्युनियर वर्ल्ड कप सर्तींत, भांगरा पदक जिखलें.

---------------------------------------------